Panaji national

14.10.25 at 8.40 am

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत मंगोलियाचे राष्टयद्क्ष  खुरेल/सुख उखना हांचे कडेन चर्चा करतले
- भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान Cardio pulmonary Resusitation (CPR) जागृताय सप्तकाचें उक्तावण केलें
- भारतीय रिझर्व्ह बँकेन भारतातल्या बँकांक आणि त्यांच्या परदेशातल्या फाट्यांक भूतान, नेपाळ आणि श्रीलंकेतल्या रहिवाशांक भारतीय रुपयांत रीण दिवपाची परवानगी दिल्या.
- केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव ह्यांनी  घोषणा केल्या की रेल्वे संरक्षण दल (RPF) खातीर भरती आता दरवर्सा कर्मचारी निवड आयोग (SSC) वरवी करतले.

पीएम 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत मंगोलियाचे राष्टयद्क्ष  खुरेल/सुख उखना हांचे कडेन चर्चा करतले. दोनूय फुडारी द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय क्षेत्राचो नियाळ घेतले आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचारांचे  आदान-प्रदान करतले. उलोवपा उपरांत कितलेशेच समजिकायेची कबलाती जावपाची शक्यताय आसा. मंगोलियाचे राष्ट्राध्यक्ष आयज सांजवेळा राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचीय भेट घेतले. राष्ट्राध्यक्ष खुरेल/सुख भारताच्या  चार दिसांच्या भोंवडेर काल नवी दिल्ली पावले. तांकां विमानतळार केंद्रीय नागरी विमानन राज्यमंत्री मुरलीधर मोहोल हांणी येवकार दिलो.राष्ट्राध्यक्ष खुरेल/सुख हांची ही पयलीच खेपे राष्ट्राध्यक्ष  म्हूण भारताची भेट.

पी एम गती 70

प्रधानमंत्री गती शक्ती - ह्या राष्ट्रीय मुखेल येवजणेन सरकाराच्या नदरेतलयान भारताच्या पुराय मुळाव्या साधनसुविधा नियोजनांत बदल केला.पीएम गतिशक्तीचे उद्दिश्ट म्हणलयार वेगवेगळ्या येरादारी पद्दतींतल्यान लोक, माल आनी सेवेत विनाशिल आनी कार्यक्षम जोडणी दिवपा-खातीर फुडले पिळगेची मुळावी बांदावळ तयार करप. जिणेची सोय वाडोवप, वेवसाय करपाची सोय वाडोवप आनी आडमेळी उणे करप आणि कमी खर्च कार्यक्षमतेन कामां बेगीन पुराय करप. निमाण्या मैला मेरेन  जोडणी वाडोवप आनी प्रवास-वेळ उणो करप. हे विशी वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हानी सांगले की  **Byte पीयूष goyal**

H&M 60

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान Cardio pulmonary Resuscitation (CPR) जागृताय सप्तकाचें उक्तावण केलें जे ह्या म्हयन्याच्या 17 तारखेक सोंपतले. केंद्रीय भलायकी

सचीव पुण्य सलीला श्रीवास्तव हानी  हे  वेळार उलयतना सीपीआर करपा खातीर भौशीक क्षमता निर्माण करपाची तातडीची गरज उक्तायली.दरेक घर, शाळा, कार्यालय आनी भौशीक सुवातेर उण्यांत उणो एक मनीस ह्या जिवीत वाचवपी तंत्रांत प्रशिक्षित आसचो हे खातीर सीपीआर जागृताय सप्तका खाला सरकाराच्या दृश्टीकोनाचेर तिणें भर दिलो.

नीती 100

नीती आयोगाच्या ceoन भारताची नीळी अर्थव्यवस्था आणि खोल दर्यातलो नुस्तेव्यवसाय-धोरणार अहवाल सादर केलो.नीती आयोगाचे सीईओ बी. व्ही. आर. सुब्रमण्यम यांनी 'भारताची नीळी अर्थव्यवस्था: खोल दर्या आणि ऑफशोअर नुस्तेव्यवसाय वापरपाची रणनीती' या मथा/ळ्याचो अहवाल सादर केलो. नवी दिल्लीत जाल्या कार्यक्रमात उलयताना  सुब्रमण्यम हांणी म्हणाले की, सुमार १२ नॉटिकल मैलाचो सार्वभौम उदका वाठार आणि २०० मैलांचे आर्थिक क्षेत्र आशिल्लो भारत, खोल दर्यातल्या संसाधनांचो सोद घेवपाक कायसो यशस्वी जाला.खोल दर्यातले आणि ऑफशोअर नुस्ते/व्यव/सायाच्या देशाच्या प्रशासनाक बळकटी दिवपाक तीन टप्प्यांचो रोडमॅप प्रस्तावित केला. पयलो पावंडो  पाया/भरणीपासून सुरू जाता उपरांत ऑपरेशन्स वाडोवप आणि निमणे शाश्वत खोल दर्यातलो नुस्ते/व्यव/सायात जागतिक फुडारपण मेळोवप आसा अशे ताणी सांगले

Rbi 100

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन भारतातल्या बँकांक आणि त्यांच्या परदेशातल्या फाट्यांक भूतान, नेपाळ आणि श्रीलंकेतल्या रहिवाशांक भारतीय रुपयांत रीण दिवपाची परवानगी दिल्या. याव्यतिरिक्त, आरबीआयन परकीय-चलन-खात्यांमधल्या वापरूंक नाशिल्या निधी खातीर परतफेड कालावधी एक महिन्या वेल्यान तीन महिन्यां मेरेन वाडयला. हे उपाय या महिन्याच्या १ तारखेक द्वीमासिक चलन धोरणा वेळार आरबीआय गव्हर्नर संजय मल्होत्रा यांनी केल्या घोषणां कडे सुसंगत आसात. जानेवारीच्या सुरुवातीक, आरबीआयन भारतीय निर्यात/दारांक निर्यात प्रक्रिया सुलभ करपाक परकीय चलन खाती उघडपाची परवानगी दिल्ली.

आरबीआयन व्यापार व्यवहार सुलभ करपाक ‘परकीय चलन व्यवस्थापन’ नियमांत बदल जाहीर केले. हे अपडेट २०१८ च्या रीण आणि रिण नियमन आणि २०१५ च्या परकीय चलन खाते नियमनांचेर परिणाम करतात.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान आयकतात

आता मुखावेलयो खबरो

वैष्णव 65

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव ह्यांनी  घोषणा केल्या की रेल्वे संरक्षण दल (RPF) खातीर भरती आता दरवर्सा कर्मचारी निवड आयोग (SSC) वरवी करतले. ताणी म्हणाले की, RPF कर्मचाऱ्याक रोखडेच VHF संचांनी सुसज्ज करतले आणि त्यांच्या कार्यक्षमतेत वाढ करपाक तांका प्रगत डिजिटल आणि ड्रोन प्रशिक्षण दितले **byte वैष्णव**

कर 60

चालू आर्थिक वर्षात आता मेरेन निव्वळ प्रत्यक्ष कर संकलन ६.३३ टक्क्यांनी वाढून अकरा पूज्य एकूननव्वद लाख कोटी रुपयांपरस चड जाला. प्राप्तिकर विभागान सांगले की

1 एप्रिलपासून  निव्वळ कॉर्पोरेट कर संकलन सुमार ५.०२ लाख कोटी रुपया जाला जे फाटल्या वर्साच्या याच कालावधीत चार पूज्य बयांनोव लाख कोटी रुपयांपरस चड आसा.  बिगर-कॉर्पोरेट कर संकलन सुमार स् पूज्य panchavon लाख कोटी रुपया जाला जे २०२४ त याच कालावधीत पाच पूज्य CHAVRYANOV लाख कोटी रुपयांपरस चड आसा.

ईपीएफओ 70

कर्मचारी भविष्य निर्वाह निधी संघटना (epfo)न या वर्साच्या सप्टेंबर महिन्यात वेतना खातीर नवीन इलेक्ट्रॉनिक चलन-सह-रिटर्न (ecr) दाखल करपाची तारीख या महिन्याच्या २२ तारखेमेरेन वाड्यल्या. सुधारित ईसीआर-प्रणालीचो उद्देश epfoच्या नियोक्ता पोर्टला वरवी नियोक्त्यां/खातीर रिटर्न फाइलिंग प्रक्रियेचो वापर/कर्ता-अनुभव सुलभ करप आनी वाडोवप आसा. कामगार आणि रोजगार मंत्रालयान माहिती दिली की सुधारित ecrच्या नवीन वैशिष्ट्यां कडे जुळोवन घेवपाक आव्हानांक फुड़ो करपी खुपशा अनेक नियोक्त्यांच्या विनंतीक प्रतिसाद म्हणून ही तारीख वाड्यल्या

Cnrt 35

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

वेदर 65

भारतीय  हवामान खात्यान आयज आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा काय सुवातीनी पावस पडपाचो अदमास काडला. हवामान खात्याच्या

म्हणण्या प्रमाण आयज आंध्र प्रदेश, छत्तीसगढ, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, महाराष्ट्र, ओडिशा, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकाल आनी तेलंगना ह्या वाठारांनी गडगड आनी वीजेच्या कडकडाटा सयत पावस पडू येता . ह्या म्हयन्याच्या 17 तारखे मेरेन ह्या वाठारांनी अशीच हवामानाची परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा.

स्पोर्ट्स 90

आयसीसी बायलांच्या एक दिसाच्या क्रिकेट विश्वचषकांत काल रातीं विशाखापटनमांत जाल्ले रोमांचक मॅचींत दक्षिण आफ्रिकेन बांगलादेशाक 3 विकेटींनी हारयलो. बांगलादेशान दील्ल्या 233 धांवड्यांची मोख गांठतना दक्षिण आफ्रिकेच्या CHLOE ट्रायनाच्या एकूण सत्तर चेंडूत बासष्ट धांवड्यो करून कठीण आव्हान पेल/ले . तिका सामना/वीराचो पुरस्कार फावो जालो. आयचे मॅचींत कोलंबोच्या आर. प्रेमदासा स्टेडियमार दनपारां 3 वरांचेर श्रीलंका आड न्यूझीलंडाचो खेळ जातलो

आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत मंगोलियाचे राष्टयद्क्ष खुरेल/सुख उखना हांचे कडेन चर्चा करतले
- भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान Cardio pulmonary Resusitation (CPR) जागृताय सप्तकाचें उक्तावण केलें
- भारतीय रिझर्व्ह बँकेन भारतातल्या बँकांक आणि त्यांच्या परदेशातल्या फाट्यांक भूतान, नेपाळ आणि श्रीलंकेतल्या रहिवाशांक भारतीय रुपयांत रीण दिवपाची परवानगी दिल्या.
- केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव ह्यांनी घोषणा केल्या की रेल्वे संरक्षण दल (RPF) खातीर भरती आता दरवर्सा कर्मचारी निवड आयोग (SSC) वरवी करतले.

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय khabrapatr तुमका aykunk मळतले सांजेच्या स् वरा तीस मिंटनचेर नमस्कार